**26 नोव्हेंबराक संविधान दीस**

ता. 24 नोव्हेंबर 2025

भारतीय संविधानाचो स्विकार केल्ल्याच्या उगडासाक दर वर्सा 26 नोव्हेंबर दिसा संविधान दीस मनयतात. संविधान दिसा सगळीं सरकारी कार्यालयां, स्वायत्त संस्थां, शिक्षणीक संस्थां सयत संघटना आनी संस्थांनी संविधान उद्देशिकेचे वाचन करतात आनी संविधानाच्या तत्वांक पाळो दिवपाचो संकल्प करतात.

26 नोव्हेंबर दिसा सकाळी 11.00 वराचेर पर्वरे सचिवालयांत आयोजीत कार्यक्रमात संविधान दीस मनयतले. ह्या वेळार मुख्य सचीव भारतीय संविधान उद्देशिकेचे वाचन करतले.

तशेंच सगळीं सरकारी कार्यालयां, स्वायत्त संस्थां, म्हामंडळांच्या कार्यालयांनी सकाळी 11.00 वराचेर संविधान उद्देशिकेचे वाचन करपाची विनंती केल्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/896

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.